# आप मजत गट संस्थां बाजार आनी दिशानिदेशन कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 2 सप्टेंबर 2024

सहकार खात्यान आप मजत गट सहकार संस्थांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सार्वजनीक गणेशोत्सव मंडळ मंडप, शिरोडा बाजार हांगा 3 ते 5 सप्टेंबर मेरेन आप मजत गट संस्थां बाजार आनी दिशानिदेशन कार्यक्रमाचे आयोजन केला. ह्या कार्यक्रमात आप मजत गट संस्थांच्या प्रतिनिधींक राज्य आनी केंद्र सरकारच्या येवजणांची म्हायती दिवपात येतली.

तशेंच आप मजत गट संस्थांक आपल्या उत्पादनांचे प्रदर्शन मांडपाक स्टॉल दितले. ह्या कार्यक्रमात सहभागी जावपा खातीर आप मजत गट संस्थांनी नोंदणी करप आवश्यक आसा. 3 सप्टेंबर दिसा सकाळी 9.00 वरांचेर नोंदणी काऊंटर उकतो जातलो.

उक्तावणाचो कार्यक्रम सांजेच्या 4.00 वरांचेर जातलो. सहकार मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांच्या हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/467

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.